**वाहन चलोवपाक शिकपाचो परवानो ऑनलायन पद्दतीन दितलें**

ता. २ जुलय 2021

वाहन चलोवपाक शिकाऊ परवानो जारी करपाखातीर येरादारी खात्यावतीन ऑनलायन सेवा सुरू करपात येतली. शिकाऊ परवान्याखातीर आरटीओ कार्यालयांनी भेट दिवपाची आता गरज आसची ना. शिकाऊ परवान्याखातीर https://parivahan.gov.in , https://goatransport.gov.in ह्या व्हेबसायटीचेर भेट दिवची.

अर्जदारांनी व्हिडिओ पळोवन रस्तो सुरक्षा नेमांचेर विचारपात येवपी प्रस्नांची उत्तरां ऑनलायन दिवपाक जाय. पात्र उमेदवारांक ऑनलायन शिकाऊ परवानो जारी करपात येतलो तो तांणी डाऊनलोड करून प्रिंट काडून घेवचो. ही ऑनलायन सेवा ५ जुलय २०२१ सावन सुरू जातली. नागरिकांनी वयल्या व्हेबसायटीचेर भेट दिवन सेवेचो लाव घेवचो.

म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/5

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji